# उर्जा फुटबॉल सर्तीच्या ट्राफी आनी मॅस्कॉटाचे अनावरण

ता. 28 एप्रिल 2017
8 वैशाख 1939

देशात ऑक्टोबर 2017 त आयोजित करपात येतल्या फिफा अंडर-17 वर्ल्ड कप सर्तीच्या अनुषंगान गोंयात 1 ते 15 मे 2017 मेरेन जावपी उर्जा-सीएपीएफएस 19 वर्सा सकयल्या दादले आनी बायलांच्या फुटबॉल टॅलंट हंट सर्तीच्या ट्रॉफी आनी मॅस्कॉटाचे अनावरण आयज कला अकादमीत आयोजित सर्तीच्या पुर्वदर्शन कार्यक्रमात महसूलमंत्री श्री. रोहन खंवटे आनी केंद्रीय आयुषमंत्री श्री. श्रीपाद नाईक हांचे हस्तुकी जाले.

कार्यक्रमाक आयजी-सीआयएसएफ श्री. सतीश खंडारे, सर्तीचे अंबासडर श्री, ब्रुनो कुतिन्हो, एमपीटीचे अध्यक्ष श्री. आय.जयकुमार, गोवा फुटबॉल विकास अकादमीचे अध्यक्ष डॉ. रूफिन मोन्तेरो, सीआयएसजीचे कमांडट हिमांशू पांडे, श्रीमती योलांड डिसौझा, सीएपीएफ, सीआयएसएफ चे अधिकारी आनी वेगवेगळया फुटबॉल संघाचे कॅप्टन हजर आशिल्ले.

श्री. सतीश खंडारे हांणी येवकाराच्या उलोवपात सर्त आयोजनाफाटलो उद्देश सांगलो.

श्री. रोहन खंवटे हांणी उर्जा-फुटबॉल टॅलंट हंट सर्त आयोजित करपाक सीएपीएफएस आनी सीआयएसएफ दळांनी फुडाकार घेतिल्लेखातीर तांचे अभिनंदन करून खेळातल्यान मनशाच्या जीणेत शिस्त, संघभावना वाडिक लागता म्हणपाचे सांगून प्रत्येक गोंयकाराच्या रगतात फुटबॉल खेळाचे कौशल्य आशिल्ल्याचे सांगले.

श्री. श्रीपाद नाईक हांणी देशात फुटबॉल खेळांक प्रोत्साहन दिवपाच्या नदरेन उर्जा फुटबॉल सर्त म्हत्वाची आशिल्ल्याचे सांगून सरकाराकडल्यान सगळया तरेच्या खेळाक सहकार्य मेळटलें म्हणपाचे सांगले.

हया सर्तीच्यो मॅची बांबोळी, नागोवा आनी नावेली मैदानाचेर जातल्यो. ता. 10 मे 2017 दिसा दादल्या आनी बायला सर्तीच्यो फायनल मॅची बांबोळी फुटबॉल स्टेडियमार जातल्यो.